Panaji regional news

4 jan 2025

7.20pm

गोंयांतली खाणां संवसारीक पातळेचेर व्हरपाचो सरकाराचो यत्न : मुखेलमंत्री

चतुरंग प्रतिष्ठान  संस्थेचे ३३ सावे चतुरंग रंगसमेलन फाल्यां सांजे फोंड्या राजीव गांधी कला मंदिरात जातले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या येजमानके खाला जावपी सुवाळ्यात प्रतिष्ठानाचो जीणे गौरव पुरस्कार भेटयतले

नुस्त्या मार्केट सोडून बेकायदेशीर रित्या नुस्तें विकतल्या आड पालिकेची कारवाय चालूच उरतली म्हणपाची शिटकावणी मुरगांवचो नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार हाणें दिल्या.

सेंट फ्रान्सीस झेवीयर हांचे पवीत्र कूडीचे दर्शन घेवपाचो कालावधी आयज शनवारा सांजे सोपलो. फाल्या आयतारा सकाळी निमणी प्रार्थना सभा (सोलमन मीस ) जातली.

1...वास्को - नुस्त्या मार्केट सोडून बेकायदेशीर रित्या नुस्तें विकतल्या आड पालिकेची कारवाय चालूच उरतली म्हणपाची शिटकावणी मुरगांवचो नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार हाणें दिल्या.

खारीवाडो वास्को वाठारान्त वेगवेगळ्या सुवातांनी बेकायदेशीर रित्या व्होलसेल नुस्तें विकतल्या आड आयज कारवाय करून पालिकेन नुस्तें ताब्यांत घेतलें. ह्या वेळार उलयताना नगराध्यक्ष बोरकार हाणें म्हळा, की व्होलसेलाच्या नावान बेकायदेशीर रित्या नुस्तें विकपाक सुरू केल्ल्यान नुस्त्या मार्केटान लोक वचपाचे उणे जाल्या. हाका लागून मार्केटान सारको धंदो जायना अशी तांच्यो कागाळ्यो आसा. मेळत तशो गाडयो पार्क करून खारीवाडो वाठारान्त नुस्तें घेवप्या आड आरटीओ तशेंच ट्राफीक पुलासानीय कारवाय करीत जाल्यार बेकायदेशीर नुस्त्याचो धंदो आपसुकच बंद जातलो अशें उलोवन दाखयताना पालिकेची ही कारवाय हाचे फुडे अशीच चालू उरतली म्हणपाची म्हायती मुरगांवचो नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार हाणें दिल्या.

2...चतुरंग प्रतिष्ठान ह्या संस्थेचे ३३ सावे चतुरंग रंगसमेलन फाल्यां सांजे फोंड्या राजीव गांधी कला मंदिरात जातले. ह्या वेळार मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या येजमानके खाला जावपी सुवाळ्यात 'नर्मदालय' संस्थेच्या संस्थापिका विशुद्धानंदा भारती ठाकूर हांका चतुरंग प्रतिष्ठानाचो जीणे गौरव पुरस्कार भेटयतले अशी महिती संस्थेच्या जाळवणदारांनी दिली. फाल्या सांजे ४ वरांचेर सुरू जावपी ह्या सुवाळ्याक मुखेलमंत्र्यांसयत मानाचे सोयरे म्हूण शास्त्रज्ञ रघुनाथ

माशेलकर आनी येवकाराध्यक्ष म्हूण उद्देजक श्रीनिवास धेंपो हाजीर रावतले. फाल्याच्या चतुरंगी सुवाळ्यात 'अर्घ्य' हो शर्वरी जमेनीस आनी सहकलाकारांची नृत्याची कार्यावळ जातली उपरांत 'अद्वैता' - 'सात यात्री एक यात्रा' ही गायिका देवकी पंडीत आनी कवी वैभव जोशी हांची जोड कार्यावळ रसीकांक अणभवपाक मेळटली. ही कार्यावळ सगळ्यां खातीर उक्ती आसा अशें चतुरंग प्रतिष्ठानान कळीत केलां.

3...सेंट फ्रान्सीस झेवीयर कूड दर्शन सुवाळ्याचो

समारोप : फाल्या सकाळी निमाणे मीस

सेंट फ्रान्सीस झेवीयर हांचे पवीत्र कूडीचे दर्शन घेवपाचो कालावधी आयज शनवारा सांजे सोपलो. फाल्या आयतारा सकाळी निमणी प्रार्थना सभा (सोलमन मीस ) जातली. लागी लागी 80 लाख भक्तांनी पवीत्र कुडीचे दर्शन घेतले, अशी म्हायती दवदर्शन सुवाळो समितीचे निमंत्रक फादर हेन्री फाल्काव हांणी दिली.फाल्या आयतारा सकाळी साडेणव वराचेर सेंट फ्रान्सीस झेवीयर हांची पवीत्र कूड मिरवणुकीन सी कॅथेड्रल चर्चीतल्यान बॅसिलिका चर्चीत हाडटले. चर्चीचे फादर आनी काय वेंचीक लोकांकूच मिरवणुकीत वांटेकार जावपाक मेळटले. उपरांत आर्चबिशप फिलीप नेरी फेर्राव हांचे फुडारपणाखाला निमणी प्रार्थना सभा जातली. फाल्या कूडीचे दर्शन घेवपाक मेळचे ना. आयज सांजे दर्शना खातीरचो निमणो दीस आसलो.सेंट फ्रान्सीस झेवीयर पवीत्र कूड दर्शन सुवाळो दरेकी 10 वर्सांनी जाता. अंदू 21 नोव्हेंबर 2024 दिसा सुवाळ्याक सुरवात जाल्ली. शनवार मेरेन दर्शन घेवपी भक्तांचो आकडो 80 लाखांच्या फुडे गेला, अशें फादर हेन्री फाल्काव हांणी सांगलें. वील

चेअर, बुगी तशेच रावपाची वेवस्था आसले कारणान अंदू गर्दी वाडली, अशें तांणी सांगलें.

4....गोंयांतली खाणां संवसारीक पातळेचेर व्हरपाचो सरकाराचो यत्न : मुखेलमंत्री

मडगाव: आके मडगाव हांगा चालू आशिल्ल्या तीन दिसांच्या गोंय सांस्कृतिक आनी अन्न महोत्सवाक लाेकांचो बेस बरो प्रतिसाद मेळटा. काल राती ह्या महोत्सवाचे मुखेलमंत्री प्रमाेद सावंत हांचे हस्तुकी उक्तावण जाले. आयज ह्या महोत्सवाचो दुसरो दीस जावन आसा.

आकेच्या कॉस्ता मैदानाचेर चालू आशिल्ल्या ह्या महाेत्सवाचे उद्घाटन करताना गोंयची पारंपारिक खाणां ग्लोबल करपाखातीर तांकां पर्यटनांकडेन जाेडपाची सरकारची येवजण अासा. गाेंयची संस्कृती आनी गोंयची पारंपारिक खाणां पर्यटनाच्या माध्यमांतल्यान पुराय संवसारात पावोवपाखातीर अशा वेगवेगळ्या महोत्सवाचे गोंय सरकारावतीन आयाेजन जाता अशें तांणी सांगलें.

ह्यावेळार पर्यटनमंत्री रोहन खवंटे, मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, फाताेड्डेचे आदले आमदार दामोदर नायक तसेच मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिराेडकार हे हाजीर आशिल्ले. प्रधानमंत्री नरेंद्र माेदी हांचे ‘लोकल टू ग्लाेबल’ हे स्वप्न आसा आनी पर्यटनाच्या

माध्यमांतल्यान गोंय सरकार ते पुराय करपाक पळयता अशें डॉ. सावंत हांणी ह्यावेळार सांगलें. ह्या महोत्सवात वेगवेगळ्या प्रकारची खाणांची दालनां मांडिल्ली आसून ह्या महोत्सवात वेगवेगळ्यो सांस्कृतिक कार्यावळीय सादर जातात. फाल्या ह्या महोत्सवाचो निमाणो दीस आसतलो.

4...गोंय युवा महोत्सव कार्याध्यक्ष 125

कोंकणी भाशा मंडळ गोंय आयोजीत 26 व्या गोंय युवा महोत्सवाचे कार्याध्यक्ष म्हणून कलानंद उर्फ अनंत श्रीधर कामत बांबोळकार हांची निवड जाल्या. हो गोंय युवा महोत्सव 25 आनी 26 जानेवारीक नारायण झांटये वाणिज्य म्हाविद्यालय, दिवचल आनी युवा जैतीवंत, दिवचल पंगडाच्या जोड पालवान नारायण झांटये वाणिज्य म्हाविद्यालयांत जातलो.

कलानंद हे वेवसायान शिक्षक, तशेंच चित्रकार. बांदोडेंच्या आर. पी. आर. एस. हायस्कुलांत ते चित्रकलेचे शिक्षक म्हणून काम करतात. साबार पुस्तकांचीं मुखपृश्ठां तांणी रंगयल्यांत. वेवसायीक रंगमाचयेर नाट्य कलाकार तशेंच दिग्दर्शक म्हणून तांची वळख आसा. कला अकादमीचे नाट्य सर्तींत उत्कृश्ट अभिनय, दिग्दर्शनाचीं इनामां तांकां

फावो जाल्यांत. 'अंत्रुज घुडयो' सारके संस्थेंतल्यान तांणी गोंय युवा महोत्सवांत मोलादीक कामगिरी केल्या तशेंच ह्या पंगडाच्या जैतांत तांचें व्हड योगदान आसा. कोंकणी चळवळीच्या सक्रीय कार्यकर्त्यां मदीं तांची वळख आसा, अशें कोंकणी भाशा मंडळान कळीत केलां.

गांव- खेड्यांचें रूपांतर समृध्दी आनी संदींचें उजवाडाचें केंद्र म्हणून करपाक तशेंच ग्रामीण भारताक सक्षम करपाक केंद्र सरकार प्राधान्य दिता अशें मत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायलां. प्रधानमंत्र्या हस्तुकीं आयज नवी दिल्लींत ग्रामीण भारत महोत्सवाचें उक्तावण जालें. त्या वेळार ते उलयताले. 2014 वर्सा सावन केंद्र सरकार सेगीत ग्रामीण भारताच्या उदरगती खातीर कार्यरत आसून लोकांक प्रतिशठेचें जिवीत मेळोवन दिवपा खातीर सरकाराचे यत्न आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. देशांतल्या दरेक गांवांत सगळ्यो गरजेच्यो सुविधा आसच्यो हे खातीर केंद्र सरकार कित्तेक येवजण्यो राबयतात अशें तांणी सांगलें.

ग्रामीण समाजाक स्वयंपूर्ण करपा खातीर प्रधानमंत्री किसान सन्मान निधि अंतर्गत शेतकारांक तीन लाख कोटी रूपयांची मजत केल्ल्याचें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.तेच वरवीं स्वच्छ भारत अभियान, पीएम आवास, जल जिवन मिशन, नितळ उदकाची वेवस्था,

निरामय जिविता खातीर भलायकी सेवा हे सारख्यो येवजण्यो सुरू आसून केंद्रीय मंत्रीमंडळान निकतीच प्रधानमंत्री पीक विमो येवजणेक आनीक एका वर्साची मुजतवाड दिल्या.फाटल्या 10 वर्सांनीं शेतकी रिणांच्या रकमेंत तीन पटीन वाड जाल्या. आतां जनावरां पोसप्यांक आनी नुस्तें पोसप्यांक किसान क्रेडीट कार्डा दितात अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.प्रधानमंत्र्यांनी ह्या महोत्सवांत वांटेकार जाल्ल्या

कारागिरांकडेन संवाद सादलो. ह्या महोत्सवांत केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन आनी केंद्रीय अर्थ राज्यमंत्री पंकज चौधरी हाजीर आशिल्ले.